**राष्ट्रपती श्रीमती द्रौपदी मुर्मू तीन दिसांच्या गोंय भेटेर**

ता. 18 ऑगस्ट 2023

भारताच्यो राष्ट्रपती श्रीमती द्रौपदी मुर्मू 22 ते 24 ऑगस्ट ह्या तीन दिसांच्या गोंय भेटीर येतल्यो. तीन दिसांच्या गोंय भेटीत राष्ट्रपती विविध कार्यक्रमांक उपस्थित रावतल्यो.

आपल्या भेटीच्या पयल्या दिसा श्रीमती मुर्मू पणजे आझाद मैदाना वयल्या हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र ओपतल्यो. सांजे राज्य सरकारावतीन तांच्या भोवमानाक आयोजीत नागरी येवकार सुवाळ्याक हजर रावतल्यो.

23 ऑगस्ट दिसा राष्ट्रपती राजभवनाच्या दरबार हॉलात आयोजीत गोंय विद्यापीठाच्या 34 व्या पदवीदान सुवाळ्याक हजर रावतल्यो तशेंच आदिवासी प्रतिनिधींकडेन संवाद साधतल्यो. उपरांत सांजे पर्वरे विधानसभा प्रकल्पात गोंय विधानसभा वांगड्यांक संबोधीत करतल्यो.

24 ऑगस्ट दिसा राष्ट्रपती आग्वाद किल्लो, बॉम जिजस बासिलिका चर्च आनी शांतादुर्गा देवस्थानाक भेट दितल्यो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/648

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.